आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या

राष्ट्रीय खबरो

Date : 16/09/2025 6.30 PM

60

केंद्रीय कृशी मंत्री शिवराज सिंग चौहान हांणी ह्या वर्साच्या रबी हंगामा खातीर अन्नधान्य उत्पादनाचें राष्ट्रीय मोख 36.250 दशलक्ष टन थारायलां अशें जाहीर केलां. 2024-25 वर्सा मेळिल्ल्या अन्नधान्य उत्पादना परस अंदूचें ध्येय 2.4 टक्के चड आसा अशी म्हायती तांणी दिली."एक राष्ट्र, एक शेत, एक संघ" ही परिशदेची संकल्पना शेतकी क्षेत्रांत समन्वय आनी भागीदारी घटमूट करपा खातीर म्हत्वाचें पावल आसा अशें ताणी मुखार सांगले.

90

वर्स 2047 मेरेन विकसीत आनी सुरक्षीत भारताचें सपन साकार करपाखातीर आमच्या तरणाट्यांची घुवळी वखदां सावान राखण करप खूब गरजेचे अशें घरमंत्री अमित शाहा हाणी स्पश्ट केलें. आयज नवी दिल्लींत राज्य आनी संघराज्यांच्या घुवळी वखदां विरोधी कार्यदळांच्या दुसऱ्या राष्ट्रीय परिशदेंत ते उलयताले.

ड्रग्सा आड व्यापक मोहीम चालीक लावपाचो उलो तांणी मारलो. ड्रग्सा आड कारवाय आनी लोक जागृताय करपाच्या गरजेचेर तांनी भर दितना ताणी सांगले (बयतेस 16सेक) दोन दिसांच्या परिशदेंतल्यान देशाक ड्रग्स मुक्त करपाच्या प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीच्या संकल्प पाक बळगें मेळटलें आनी हें ध्येय साध्य करपा खातीर आराखाडो करपाक एक माची मेळटली .

45

राष्ट्रीय साधन आणि गुणवत्ता शिश्यवृत्ती येवजणे खाला 2025-26 वर्सा खातीर राष्ट्रीय शिश्यवृत्ती पोर्टलाचेर अर्ज सादर करपाची निमाणी तारीक 30 सप्टेंबर मेरेन वाडयल्या. राज्यांतल्या फकत सरकारी, सरकारी अनुदानित आनी थळाव्या संस्थांच्या शाळांनी शिकपी विद्याथ्यां खातीर ही येवजण वैध आसा अशें शिक्षण मंत्रालयान एका निवेदनांत सांगलां.

65

फाल्यां सावन स्वच्छताही सेवा मोहीम चालिक लायतले . ही मोहीम अंदू स्वच्छतोसव म्हणून मनयतले अशी म्हायती केंद्रीय शार उदरगत मंत्री मनोहर लाल हांणी नवी दिल्लींत पत्रकार परिशदेंत दिली. हे मोहिमेवरवी देशभर व्हड प्रमाणांत नितळसाण मोहीम आनी श्रमदान जातले अशें तांणी सांगलें.

25 सप्टेंबराक पंडित दीनदयाल उपाध्याय हांच्या जल्मदिसा निमतान एक दीस, एक साथ, एक तास श्रमदान ही देशव्यापी कार्यावळ चालीक लायतले अशे तांणी म्हणला .

30

अमेरिकेंतले भारतीय राजदूत विनय मोहन क्वात्रा हांणी भारतीय अंतराळ  संशोधन संघटना (इसरो) आनी अमेरिकेची अंतराळ  एजन्सी (नासा) मदीं आशिलल्या अंतरिक्ष भागीदारीचेर भर दिलो . दोनूय देशांच्या सहकार्यचेर अंतरिक्ष मळावेल्या म्हत्वाविशी ताणी सांगले ( बयतेस २२सेक)

मॉरिशसाचे प्रधानमंत्री डॉ.नवीनचंद्र रामगूलम हांणी राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेतली . ह्या भेटिक लागून लागून भारत-मॉरिशस द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट जातलो असो विस्वास राष्ट्रपतीनी उक्तायला . ताचे पयली मॉरिशसाचे प्रधानमंत्रांनी नवी दिल्लीच्या राजघाटाचेर महात्मा गांधी हांका आर्गा ओपली.तशेच सदैव अटल समाधिक भेट दिवन आदले प्रधानमंत्री अटल बिहारी वाजपेयी हांकां आर्गा ओपली. तशेच उपराष्ट्रपती सी.पी.राधाकृष्णन वांगडा  चर्चा केली. मॉरिशसाच्या प्रधानमंत्रीच्या भारत भोंवडेचो आयज निमाणो दीस आसा.

ह्या स्वातंत्र्य दिसा तांबड्या किल्ल्याच्या तटबंदीवेल्यान प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन फुडले पिळगेंतल्या जीएसटी सुदारणांची घोशणा केल्ली. जीएसटी परिषदेन  नागरिकांचे  जिवीत सोंपें करपा खातीर जायत्या क्षेत्रांनी कराचे दर उणे केल्यात . आता शेती मळावेल्या सुदारणांविशी आयकुयात (बयतेस35 सेक )

उत्तराखंडांत काल देहरादूनांतल्या सहस्त्रधारा वाठारांत जाल्ल्या उतांगराच्या पावसाक लागून लोकाजीणेत आडमेळी आयिल्ली.
हेवीशी मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हानी सांगले

भारतीय हवामान खात्यान आयज ईशान्य राज्यां, बिहार, झारखंड,कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, मराठवाडा आनी अस्तंत बंगालातल्या कांय सुवातिनी चड पावस पडपाची शक्यताय आसा.

इतल्यान ह्या राष्ट्रीय खबरो सोपल्या. आमचे मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुक मेळटले फाल्या सकाळी आठ जावण चाळीस मिंनटाचेर